०४.०७.०२०२५ सकाळी ७.२५ वरां

आकाशवाणी पणजी प्रादेशिक खबरा

प्रादेशिक खबरो

एक भारत,श्रेश्ठ भारत,अखंड भारत ही विचारसरणी घेवन रुजिल्ल्या भारतीय जनता पक्षान आयज देशाक सुराज्य ,तशेंच रामराज्य दीला अशे विधान मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला. राश्ट प्रथम ह्या तत्वाक महत्व दीवन भाजपाच्या कार्यकर्त्यांनी काम केला,जाल्यार कांय म्हान फुऱ्यानी देशाखातीर प्राणाचे बलीदिन सुद्धा दीला .जाल्यार पक्षाचे संस्थापक श्यामा प्रसाद मुखर्जी ते आताचे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी देशाच्याा उदरगतीखातीर भरीव योगदान दीला अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.भाजपाचो काल 46 वो स्थापना दीस .हे फांटभुयेर पणजे भाजप मुख्यालयात खासा कार्यावळ आयोजीत केल्ली त्यावेळार मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत उलयताले.

बाय्ट - मुखेलमंत्री

गोयचे खासदार श्रीपाद नायक हाणी राष्ट्रवाद, समाजवाद ह्या विचारसरणीन भाजपान देशाक बरे सरकार दिल्ल्याचे सांगले.

बाय्ट - श्रीपाद नायक

ह्या कार्यावळीक पक्षाचे फुडारी गोविंद पर्वतकार,सिद्भार्थ कुंकळ्येकार,आमदार जेनीफर मोन्सेरात,राजेश फळदेसाय,तशेंच पक्षाचे कार्यकर्ते व्हडा आकड्यान हाजीर आशील्ले. कार्यावळी उपरांप भारतीय जनता पार्टीच्या राजकीय प्रवासाचो नियाळ दीवपी फोटो प्रदर्शनाचे उक्तावण मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जाले.

गोंय शालांत मंडळान घेतिल्ले धावेचे परिक्षेचो निकाल आयज सांजेच्या 5 वरांचेर जाहीर जातलो. काल मंडळाचे अधिकृत संकेतथळार अपलोड करतले. विद्यार्थ्यांनी मंडळाच्या www.gbshse.in आनी http://results.gbshsegoa.net/#/ ह्या संकेतथळांक भेट दिवन निकाल तपासचो. गोंय शालांत मंडळान राज्यांत 1 मार्च 2025 ते 21 मार्च 2025 मेरेन धावेची परिक्षा घेतिल्ली. ही परिक्षा राज्यभरांतल्या 32 वयर 4 (उर्दू माध्यम) परिक्षा केंद्रांनी जाली. अंदू 18,838 विद्यार्थी परिक्षेक बशिल्ले. तातुंतले 9280 चलयो आनी 9558 चले आशिल्ले.

राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाच्या प्रभावी कार्यवाही खातीर अंदू आयज सावनच शिक्षणीक वर्साक सुरवात जाता. सवी ते बारावे मेरेनचे (अकरावी सोडून) वर्ग फाल्यां सोमारच्यान सुरू जरी जाले तरी सवी, णववी आनी धावे यत्ते खातीर एनईपी लागू जाता. सवे यत्ते खातीर ब्रिज (एक्टीविटी बेसड लर्निंग) अभ्यासक्रमान शिक्षणीक वर्साचो श्रीगणेशा जातलो.सवेचे यत्ते खातीर पुस्तकां बदल्ल्यांत. मराठी आनी कोंकणी सोडून हेर सगल्या विशयांचीं पुस्तकां उपलब्ध जरी आसलीं तरी एप्रिलंात पाठ्यपुस्तकांतल्या अभ्यासक्रमाचेर भर दितले. सगले विशय प्रात्यक्षीक उपक्रमाच्या (एक्टीविटी बेसड लर्नींग) आधारार शिकयतले. गणितांत पाढे म्हणपा वांगडा गुणाकार, भागाकार तशेंच हर गणितां प्रात्यक्षिकांच्या आधारार शिकयतले. भाशा

विशयां सयत विज्ञान आनी समाजशास्त्राचो विशय प्रात्यक्षिकांच्या आधाराचेर शिकयतले. राज्य शिक्षण संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळाची (एससीईआरटी) संचालक मेघना शेटगांवकार हांणी ही म्हायती दिली.

गोंय वेधशाळेच्या अहवाला प्रमाण उत्तर आनी दक्षिण गोंय जिल्ह्यांचेर हवामान सुकें आसपाची खूब शक्यताय आसा. तशेच जायत्या वाठारानी उष्ण आनी दमट हवामान आसतले.

आयपीएल टी टी 0 क्रिकेटांत काल रातीं हैदराबादांत गुजरात टायटन्सान सनरायझर्स हैदराबाडाक सात विकेटींनी हारयलो. जैताखातीर 153 धांवड्यांची मोख गाठतना गुजरात टायटन्सान 16.4 ओव्हरींनी तीन विकेटी वगडावन 153 धांवड्यो केल्यो. गुजरात टायटन्सचो कर्णधार शुबमन गिलान अपराजित 61 धांवड्यो केल्यो.